# “गोंयांत आमकां नाका व्यसन” ऑनलाईन गायन सर्तीचो निकाल

ता. ६ ऑगस्ट 2021

दक्षीण गोंय जिल्हा समितीन कला आनी संस्कृती विभागाच्या समन्वयान नशा मुक्त भारत मोहिमेखाला "गोयांत आमकां नाका व्यसन" ह्या संकल्पनेचेर दक्षीण गोंयांतल्या सामान्य लोकांखातीर आयोजीत केल्ल्या ऑनलाईन एकोडी गायन सर्तीचो निकाल जाहिर केला.

16 जुलय 2021 दिसा 14 ते 17 वर्सां आनी 18 वर्सां आनी त्या वयल्या पिराय गटांखातीर ही सर्त आयोजीत केल्ली. नामनेचे गायक आनी संगीतकार श्री. मुकेश घाटवळ, कु. सोनिया सिरसाट आनी प्रा.अनिल सामंत हांणी सर्तीचे परिक्षण केले. 18 वर्सां आनी त्या वयल्या गटात स सर्तकांनी वाटो घेतिल्लो जाल्यार 14 ते 17 वर्सां पिराय गटात एका सर्तकान वाटो घेतिल्लो.

कुडचडे हांगाचे हर्ष सावंत हांणी 14-17 वर्सां पिराय गटात पयले पारितोषिक मेळयले जाल्यार 18 वर्सां आनी त्या वयल्या गटात मंगेशी हांगाचे आकाश मंगेशकर हांणी पयले, मडगांवचे श्री अनिकेत दड्डीकर हांणी दुसरे आनी प्रियोळच्यो श्रीमती नितल गावडे हांणी तिसरे पारितोषिक मेळयले.

उत्कृश्ट गीताचे पारितोषिक सांगेचे श्री.दयानंद पाटेकर आनी वास्कोचे श्री. मंगेश शेट्ये हांणी मेळयले. दक्षीण गोंय जिल्हा समितीन सर्तीच्या जैतवंतांचे अभिनंदन केला. नशा मुक्त भारत अभियान मोहिमेविशीं जागरूकताय निर्माण करपाखातीर गाण्यांचो वापर करपात येतलो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/654

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji